# केरळचे राज्यपाल म्हूण नेमणूक जाल्ले राजेंद्र आर्लेकर हांणी गोंयच्या राज्यपालाची भेट घेतली

ता. 1 जानेवारी 2025

केरळचे राज्यपाल म्हूण नेमणूक जाल्ले श्री. राजेंद्र विश्वनाथ आर्लेकर हांणी आयज गोंयच्या राजभवनांत गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांची भेट घेतली.

गोंयचे राज्यपाल श्री. पिल्लई हांणी श्री. राजेंद्र आर्लेकर हांका शाल, पारंपरीक दिवली आनी तुळशीमाळ भेटयली. राज्यपाल श्री. पिल्लई हांणी श्री. राजेंद्र आर्लेकर हांका केरळ राज्यासंबंदीत म्हायती दिली.

श्री. आर्लेकर हांची केरळचे राज्यपाल म्हूण नेमणूक जाल्ले खातीर राज्यपालान साबरीमल श्रीधर्म संस्थानच्या अय्यप्पा देवस्थानांत आनी श्रीकृष्ण गुरूवयुर देवस्थानांत खास पुजा करून तुळशीमाळ अर्पण केल्ल्याची म्हायती दिली.

राज्यपाल श्री. पिल्लई हांणी श्री. राजेंद्र आर्लेकर हांका परबीं भेटयतना केरळचे राज्यपाल म्हूण सेवा करपाक तांका बरें यश आवंडेले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/01

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.